# स्वयंपूर्ण ग्रामीण वांठारच गोंयचो सर्वांगीण विकास करपाक शकतले: मुख्यमंत्री

ता. 19 एप्रिल 2022

गोंय राज्याचो सर्वांगीण विकास करपाखातीर पयली राज्यांतल्या गावांच्या  विकासाचेर भर दिवपाची गरज आसा. स्वयंपूर्ण ग्रामीण वांठारच गोंय पुराय  तरेन  विकसीत करपाक शकतले, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज  पेडणे नगरपालिकेच्या नवीन प्रशासकीय इमारतीचो बुन्यादी फातर बसोवपाच्या  सुवाळ्याचे मुखेल सोयरे म्हूण उलयताना सांगलें.

पेडणे नगरपालिकेन गोंय राज्य शार उदरगत संस्थेच्या जोड पालवान आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमात फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान सांगलें, पंचायत तशेंच नगरपालिका इमारतींच्या पायाभूत सुविधांच्या विकासाचेर सरकार भर दिता. पंतप्रधान नरेंद्र मोदी हांणी राबयिल्ल्या गतिशक्ती येवजणेचीय मुख्यमंत्र्यान म्हायती दिली.

पेडणे नगरपालिकेच्या नवीन प्रशासकीय इमारत प्रकल्पाखातीर सरकार सुमार 9 कोटी रुपया खर्च करता. फकत पायाभूत सुविधांच न्हय तर मानवी विकासाचेर लक्ष केंद्रीत करून पेडणे आनी मांद्रेचो विकास करपाखातीर सरकाराचे सतत प्रयत्न आसतले, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

मोपा विमानतळार एव्हिएशन स्किल सेंटर सुरू जाल्ले आसा.  जाल्यार आयुष  हॉस्पिटल आनी आयुर्वेदिक मेडिकल कॉलेज जूनासावन सुरू जातले, अशीय म्हायती तांणी दिली. तशेंच स्टेडियमय तयार जाता. ह्या सगळ्यां सुविधांचो फायदो लोकांक जातलो, अशें तांणी  म्हणलें.

तांणी युवकांक कुशळटाय विकास उपक्रमांनी भाग घेवपाचो उलो मारून आयटीआय तशेंच कुशळटाय विकास केंद्रान सुरू केल्ल्या विंगड विंगड कुशळटाय उपक्रमांची म्हायती दिली.

आमदार श्री. प्रवीण आर्लेकर, श्री. जीत आरोलकर, नगराध्यक्ष श्रीमती उषा नागवेकर आनी हेर नगरसेवक आनी अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें. सुरवातीक  श्रीमती उषा नागवेकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/269--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,

Near Azad Maidan, Panaji